**Panaji regional 26 December 2025 at 7.20 pm**

मुखेल खबरो :-

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी आज नवी दिल्लीत वीर बाल दिसानिमित्त प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार प्रदान केले.
- सिख समाजाच्या वीर बाल दीसाच्या फांटभुयेर आयज भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक, तशेंच पर्यटन मंत्री रोहन खवंटे हांणी शहिद फतेह सिंग आनी जोरावर सिंग हांका पर्वरे बेती गुरुव्दारात वचुन आर्गां ओपली.
- गोंय राज्य वेंचणुक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान विशेष मतदांर वळेरी उजळणी मोहिम वरवीं उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्ह्याची मतदांर वळेरी तयार करून ती प्रसिध्द केल्या
- पर्यायी वाद निराकरण पद्धतीक चालना दिवपा खातीर सकाळीं पणजेच्या कला अकादेमींत प्रतिकात्मक मध्यस्थी जागृताय वॉल्कथॉन आयोजित केल्ली.

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी आज नवी दिल्लीत वीर बाल दिसानिमित्त प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार प्रदान केले. या वर्सा १८ राज्य आणि केंद्रशासित प्रदेशातल्या २० भुरग्यांक उत्कृष्ट कामगिरी केल्याबद्दल पुरस्कार प्रदान केले. यावेळार उलयताना राष्ट्रपतीनी म्हणले की, हे पुरस्कार विजेत्यांक प्रोत्साहन दितले आणि देशभरातल्या मुख्यांक प्रेरणा दितले. पुरस्कार विजेत्यांनी शौर्य, कला आणि संस्कृती, पर्यावरण, नवोपक्रम आणि विज्ञान आणि तंत्रज्ञान या सयत वेगवेगळ्या क्षेत्रात असाधारण योगदान दिला, असे राष्ट्रपती मुर्मू यांनी नमूद केले.

सिख समाजाच्या वीर बाल दीसाच्या फांटभुयेर आयज भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक, तशेंच पर्यटन मंत्री रोहन खवंटे हांणी शहिद फतेह सिंग आनी जोरावर सिंग हांका पर्वरे बेती गुरुव्दारात वचुन आर्गां ओपली. 10 व्या गुरू गोविंद सिंग हांचे ह्या दोनुय धाडसी पुतानी धर्मवाद आनी धर्मांतरण आडोवपाच्या नदरेतल्यान देल्ले बलीदान महत्वाचो आसा अशे ह्यावेळार दामोदर नायक हांणी म्हळा. तांचे हे राष्ट्रप्रेम आयच्या पिळगेक पासून देख दीवपी आसा अशे ह्यावेळार दामोदर नायक हांणी म्हणला.

देशाच्या संकटाच्या काळात सिख समाजान सदाच समाजाक महत्वाची सेवा दीला.तशेंच देशप्रेम,देशाच्या सेवेक ह्या समाजान साबार तऱ्हेन मजत केल्या. गरज पडल्यार जीवाचे बलीदानुय दीला.गोंयात कोव्हीडाच्या म्हामारीच्या काळात गोंयच्या सीख समाजान केललो वावर महत्वाचो आसा अशे ह्यावेळार मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला.ह्यावेळार बेती गुरूद्वार सीख समितीचे वांगडी तशेंच भाजप कार्यकर्ता हाजीर आशील्ले.

गोंय राज्य वेंचणुक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान विशेश मतदारं वळेरी उजळणी मोहिम (एसआयआर) वरवीं उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्ह्याची मतदारं वळेरी तयार करून ती प्रसिध्द केल्या आनी मतदारांनी मतदार वळेरी विशीं कसलेय दावे वा आक्षेप आसल्यार ते 15 जानेवारी 2026 मेरेन सादर करपाक सांगला. अशें आक्षेप/दावे 7 फेब्रुवारी 2026 मेरेन ते निकालांत काडटले. अंतीम वळेरी प्रसिध्द करपा खातीर 10 फेब्रुवारी 2026 मेरेन आयोगाची मंजूरी घेतले आनी 14 फेब्रुवारी 2026 दिसा अंतीम मतदार वळेरी प्रसिध्द करतले.

SIR मतदारं वळेरी संबंदीत मतदारां कडल्यान सादर केल्ले आक्षेप वा दाव्यांची तपासणी आनी सुनावणी करपाविशीं संबंदीत मतदारांक नोटिस धाडल्या. ज्या मतदारांक बीएलओ कडल्यान नोटिस मेळ्ळ्या अशां सगळ्यां मतदारांनी आवश्यक दाखल्या सयत आपल्या संबंदीत मतदारसंघाच्या सुनावणीच्या सुवातेर भेट दिवची. SIR मतदारं वळेरी संबंदीत दाव्यांचेर सुनावणी करून वेंचणूक अधिकाऱ्यान दिल्लो निर्णय खंयचोय राजकीय पक्ष वा मतदाराक अमान्य आसल्यार लोकप्रतिनिधी कायदो 1950 च्या कलम 24(अ) खाला जिल्हा वेंचणूक अधिकाऱ्या मुखार अपील करपाक शकतात. तशेंच पयल्या अपीलेट अधि/कारी/णीन दिल्ल्या निर्णयाआड कलम 24(ब) खाला मुख्य वेंचणूक अधिकाऱ्या मुखार दुसरो अपील करपाक शकतात.

पर्यायी वाद निराकरण पद्धतीक चालना दिवपा खातीर सकाळीं पणजेच्या कला अकादेमींत प्रतिकात्मक मध्यस्थी जागृताय वॉल्कथॉन आयोजित केल्ली.भारताचे मुखेल न्यायाधीश न्यायमूर्ती सूर्यकांत हांच्या आगमना उपरांत ह्या 2 किलोमीटर वॉकथॉनाक पांचवो बावटो दाखयलो. हो मार्ग कला अकादमींतल्यान सुरू जावन दयानंद बांदोडकर मार्ग, ईएसजी कार्यालया लागसरच्या योग सेतू आणि मांडवी न्हय देगेच्या मार्गा/कडल्यान परत कला अकादमी हांगा सोपलो. या कार्यावळीचो उद्देश,वाद सोडवपाची एक शांततापूर्ण आणि प्रभावी पद्धत म्हणून मध्यस्थीबद्दल जागरूकता पसरोवप आशिल्लो. वॉक थॉन पुराय केल्या उपरांत न्यायमूर्ती सूर्यकांत यांनी कार्यक्रमाच्या स्थळार वृक्षारोपण आणि स्वच्छता मोहिमेत भाग घेवन समाजीक समरसते वांगडाच पर्यावरनाप्रती जापसालदारकेचें म्हत्व अधोरेखित केले.

काणकोणच्या शिक्षणीक उदरगतीची मोख दवरून बलराम शिक्षण संस्थेसारख्यो संस्था अविरत काम करतात अशे कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर हांणी सांगला. ह्या संस्थेच्या वर्सुकी स्नेह संमेलनात मुखेल सोयरे म्हुण ते काल उलयताले. शिक्षणीक मोख गाठटाना विद्यार्थ्यांनी स्पर्धात्मक परीक्षांची वाट धरची आनी यश जोडचे असो तांणी उलो मारलो. बलराम शिक्षण संस्थेन जेईई तशेंच नीट परीक्षेचे कोचिंग सुरू केलां अशें तांणी सांगले.

बेब्रास इंडिया चॅलेंज २०२५ सर्तीत गोंयातल्या विद्यार्थ्यांनी बरे यश जोडला अशी म्हायती गोवा राज्य शिक्षक प्रशिक्षण संस्थेन दिल्या. ACM इंडियाच्या c.s पथशाळा उपक्रमान आयोजित केल्ल्या ह्या राष्ट्रीय सर्तीत राज्यातल्या विद्यार्थ्यांनी वाटो घेतील्लो. संगणकीय विचार/सरणीच्या मूळाव्या संकल्पनांची वळख करून दिवपाखातीर हे आव्हान तयार केल्ले. ८ ते १८ पिराय गटातल्या विद्यार्थ्यांमदी समस्या सोडोवपाची कुशळताय , तार्किक मत आणि अल्गोरिथमिक विचारसरणी वाडोवप हे ह्या आव्हानाचे उद्‌दिष्ट आसा. GSCERT आनी PMU CARES च्या प्रयत्नांक लागून , राज्यातल्या वेगवेगळ्या शाळांतल्यान १६ हजारापरस चड विद्यार्थ्यांनि ह्या प्रतिष्ठित सर्तीत वाटो घेतील्लो, तांतुतल्या १३ हजार सशे त्रेपपन विद्यार्थ्यांनी हे आव्हान पूराय केले. राज्यातल्या धा विद्यार्थ्यांनी इंग्रजी, हिंदी आणि मराठी भाशांनी "राज्यात सर्वोत्तम" हो भोवमान मेळयला .

पॅराग्लायडिंग तशेच हवेतले क्रीडा प्रकार (एरो स्पोर्टस) चडान चड सुरक्षीत जावचे म्हूण यंत्रणे सयत उपकरणांची नेमीत तपासणी जातली. यंत्रणे सयत उपकरणांची तपासणी करपा खातीर सरकारान उत्तर आनी दक्षीण गोंयां खातीर स्वतंत्र समिती स्थापन केल्या. ही समिती उपकरणांची तपासणी करपा सयत उपकरणा तशेच यंत्रणेचे प्रमाणीकरण करतली.

बायला क्रिकेटत भारत श्रीलंका आड तिसरो टी-२० आंतरराष्ट्रीय खेळ आज तिरुअनंतपुरमात ग्रीनफील्ड इंटरनॅशनल स्टेडियमार खेळता . आयतारा पयल्या खेळात भारतान श्रीलंकेचो आठ विकेटसान पराभव केलो आणि मंगळरा विशाखापट्टणमात दुसरो खेळ सात विकेट्सन जिंकला

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान बत्तीस पूज्य चार डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान अठरा पूज्य एक डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला..राज्यात वातावरण सुके आणि वताळ आसतले. हलकेते मध्यम प्रमाणात धुके पातळू येता अशे वेधशाळेन म्हणला

एक फावट काय मुखेल खबरो

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी आज नवी दिल्लीत वीर बाल दिसानिमित्त प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार प्रदान केले.

सिख समाजाच्या वीर बाल दीसाच्या फांटभुयेर आयज भाजप प्रदेशाध्यक्ष दामोदर नायक, तशेंच पर्यटन मंत्री रोहन खवंटे हांणी शहिद फतेह सिंग आनी जोरावर सिंग हांका पर्वरे बेती गुरुव्दारात वचुन आर्गा ओपली.

गोंय राज्य वेंचणुक अधिकाऱ्याच्या कार्यालयान विशेश मतदांर वळेरी उजळणी मोहिम वरवीं उत्तर आनी दक्षीण गोंय जिल्ह्याची मतदांर वळेरी तयार करून ती प्रसिध्द केल्या

पर्यायी वाद निराकरण पद्धतीक चालना दिवपा खातीर सकाळीं पणजेच्या कला अकादेमींत प्रतिकात्मक मध्यस्थी जागृताय वॉल्कथॉन आयोजित केल्ली.